**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', पयलो माळो, दादा वैद्य मार्ग, पणजी-गोंय 403001

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 9, वर्स 2017**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22.09.2017 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी/ विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमुद केल्ल्या प्रमाणें, आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**I.उच्च शिक्षण संचालनालय**

1. **सरकारी महाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापक** (Assistant Professors in Government College)

(i) **अर्थशास्त्र** (Economics) .........**1 पद (अनुसुचीत जमातींक आरक्षीत)**

(ii)**राजशास्त्र** (Political Science) .........**1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रु. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यकः** (i) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत मास्टर पदवी पांवड्याचेर उण्यांत उणे 55 टक्के गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी)/राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तिची आसतली.पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी दिल्ल्या वा मेळळ्या जी "विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पद्दत), नियमन 2009 चें पालन करून दिलां, तांकां महाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदां खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटीची किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली" (iii) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक** – (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम.फील ii)मराठीचें गिन्यान.

## II. गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालय

### 2. प्राचार्य/संस्थेचो मुखेली (Principal/Head of the Institute) .......1 पद

**वेतन श्रेणी**: रु. 37,400-67,000+10,000/- आनी दर म्हयन्याक रू. 3000/- विशेश भत्तो (पूर्व-सुदारीत) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यकः** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच.डी वा तत्सम (पीएच.डी विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन दिवपी आनी पीएच.डी. उपरांतचें प्रकाशन आशिल्ली व्यक्ती आसल्यार चड बरें).(ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांची संबंदीत शाखेंत पयले श्रेणी सयत बी.ई./बी.टॅक आनी एम.ई./एम.टॅक वा बी.ई./बी.टॅक. वा एम.ई./एम.टॅक हातूंत एकान तत्सम वा (iii)शिकोवप/संशोधन/वेवसायांत हातूंत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो अणभव तातूंत तीन वर्सांचो प्राध्यापक स्तराचो अणभव आसल्यार बरें, वा (iii) शिकोवप /संशोधन/उद्देग हातूंत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो अणभव. **टीपः संशोधन अणभव आसल्यार, बरी शिक्षणीक नोंद आनी पुस्तक/संशोधन पेपर प्रकाशन/आयपीआर/पेटण्ट हातूंत निवड समितीच्या तज्ञ सदस्या वरवीं मानद योग्यतायेची आवश्यकता जाय. वेवसायीक अणभव**

**जरी विचारांत घेतल्यार, तेच प्रमाणें वेवस्थापकीय स्तरा वांगडा समानक अश्या प्राध्यापक स्तराचेर योजनाबद्ध/आरेखन, उदरगत, योजना,कार्यपालन, विश्लेशण, गुणवत्ता नियंत्रण, नवसर्जन, प्रशिक्षण, तांत्रिकी पुस्तकां/संशोधन पेपर प्रकाशन/आयपीआर/पेटण्ट आनी हेरांनी सक्रीय वांटो घेवंक निवड समितीच्या तज्ञ सदस्या वरवीं मानद योग्यताय जाय. वेवस्थापन हाताळणी आनी नेतृत्वाचो अणभव.** (iv) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक** – (i) प्रशासकीय स्तराचेर जबाबदारीचें पद सांबाळिल्ल्याचो अणभव(ii) मराठीचें गिन्यान.

**(III) वाणिज्य कर आयुक्ताचें कार्यालय**

**3. वाणिज्य कर अधिकारी (Commercial Tax Officer) ....... 16 पदां [2 पदां अनुसुचीत जमातींक आरक्षीत, 1 पद शारिरीक अपंगुळाक/दिव्यांगाक (एक हात/एक पांय/दोनूय पांय/एक हात आनी एक पांय/आयकुपाची अपंगुळताय )खातीर आरक्षीत, 4 पदां हेर मागास वर्गीयांक आरक्षीत आनी एक पद स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक आरक्षीत.]**

**वेतन श्रेणी :** रु. 9,300-34,800+4,600/- (पूर्व सुदारीत) ( सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय:** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** : (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम, वाणिज्य वा अर्थीक विशयांत पदवी. (ii) सनदी लेखाकार संस्थेचे सहकारी वांगडीपद वा सरकारी वा निम-सरकारी संघटणेचो वाणिज्य लेखांत वा वाणिज्य वा बँक संस्थेंत वा सनदी लेखाकार संस्थेंत 3 वर्सांचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा तत्सम. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## IV. गोंय पुलीस खातें

**4. फॉरेन्सीक विज्ञान प्रयोगशाळेंत विज्ञानीक सहाय्यक (पोलिग्राफी) (Scientific Assistant in Forensic Science Laboratory) (Polygraphy) ......... 1 पद (दुसरे फावट)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 35,400-1,12,400/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान मानसशास्त्र विद्याशाखेची विशेशताय आशिल्ले विज्ञान शाखेंत मास्टर पदवी/कला शाखेंत मास्टर पदवी आनी (ii) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक:** (i) संगणकांत साक्षर आसूंक जाय (ii) मराठीचें गिन्यान.

## V. आदिवासी कल्याण संचालनालय

**6. सहाय्यक संचालक (Assistant Director) ...... 1 पद (दुसरे फावट)**

**वेतन श्रेणी:-** रु. 44,900-1,42,400/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम, समाज सेवा वा समाज कल्याण वा समाज कार्य वा समाजशास्त्र वा मानसशास्त्रांत मास्टर पदवी. (ii) सरकारान मान्यताय दिल्ले खंयचेय समाज कल्याण संघटणेंत समाज कार्यांत पांच वर्सांचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक:** (i) मराठीचें गिन्यान.

*********************************************************************************

*********************************************************************************

# कळोवणी

गोंय नागरीक सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी (जायरात क्रमांक 7, वर्स 2017 ) ह्या पदां खातीर संगणकाचेर आदारीत भरती चांचणी 24.09.2017 ह्या दिसा दवरल्या. सगळ्या पात्र आशिल्ल्या उमेदवारांक 28.08.2017 हे तारखेक एसएमएसा वरवीं माहिती कळीत केल्या. हॉल तिकेट (वळख पत्र) आनी परिक्षा केंद्रांचे माहिती संबंदान एसएमएस आनी ई-मेला वरवीं अल्प काळांत कळीत करतले . तशेंच आयोगाच्या संकेत थळाचेर अपलोड करतले.